# कोयराचे योग्य तरेन वेवस्थापन करपाक सरकार वचनबद्द आसा-मुख्यमंत्री

ता. 15 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्यातल्या कोयराचे योग्य तरेन वेवस्थापन करपाक सरकार वचनबद्द आशिल्ल्याचो पुनरुच्चार करून संबंदीत यंत्रणांक गरज पडल्यार कायद्यांचीय अंमलबजावणी करपाक सांगले.

डॉ. सावंत हांणी आयज सचिवालयात गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या संचालक मंडळाच्या बसकेत राज्यातल्या दोनीय जिल्ह्यांनी सुरू आशिल्ल्या कामांचो नियाळ घेतलो.

मुख्यमंत्र्यान काकोडा हांगा चालू आशिल्ले घनरूप कोयर वेवस्थापन प्रकल्पाचे आनी सत्तरी तालुक्यातल्या पिसुर्ले हांगा कोयर वेवस्थापन सुविधा प्रकल्पाचे काम पुर्ण करपाचे आदेश संबंदीत अधिकाऱ्यांक दिले.

विज्ञान आनी पर्यावरण मंत्री श्री. मायकल लोबो हांणी सरकार कोयराचे योग्य वेवस्थापन करपाबाबतीत गंभीर आशिल्ल्याचे सांगून सध्या काकोडेचो घनरूप कोयर वेवस्थापन प्रकल्प पुर्ण करपाचेर भर दिल्लो आसा, अशें सांगले. कुंडय, दिवचल हांगाय कोयर वेवस्थापन प्रकल्पांची कामां चालू आसून हे प्रकल्प रोकडेच चालू जातले, अशी माहिती तांणी दिली.

विज्ञान आनी पर्यावरण संचालक श्री. लेव्हिन्सन मार्टिन्स हांणी कोयराचो योग्य विल्हो लावपाखातीर कोयर योग्य तरेन वेगळो करपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले. कोयराचो अनधिकृत विल्हो लावपाचे थांबोवपाखातीर सरकारन कायदे केल्ले आसून अनधिकृतपणान कोयराचो विल्हो लावपी आस्थापनांचेर सरकार 25,000/- रुपयांमेरेन दंड घालपाक शकता, अशी माहिती तांणी दिली.

विज्ञान आनी पर्यावरण सचीव श्री. तारिक थॉमस, पंचायत संचालक श्रीमती सिध्दी हळर्णकर, श्री. गुरुदास पिळणकर आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/406

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji